३०.१०.२०२५ ७.२५ वरां

आकाशवाणी पणजी केंद्र, प्रादेशिक खबरा विभाग - प्रादेशिक खबरो

सरकारी तशेंच आल्वारा जमनीत आशिल्ली घरां लेगीत कायदेशीर करपाचे येत्न जातले अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगले. ते काल काणकोणा 'म्हजें घर 'येवजणेंचे अर्ज वितरीत करपाच्या कार्यावळींत उलयताले. ह्या कार्यावळीक कला आनी संस्कृती मंत्री रमेश तवडकर हाजीर आशिल्ले. तालुका पांवड्यार तशेंच मतदार संघ पांवड्यार म्हजें घर येवजणेंचे काम व्हडा नेटान चालू आसा. मतदारसंघ पांवड्यावेल्या चडश्या कार्यावळींक मुखेलमंत्री हाजीर आसतात. **Byte**

सेगीत पडपी पावसाक लागून जायत्या भात शेतकारांक पिकां काडपाक मेळनाशिल्ल्यान लुकसाण सोंसचें पडला. अशा शेतकारांफाटल्यान सरकार खंबीरतायेन उबो आसा,अशा शेतकारांक आदार दिवपा खातीर राज्य सरकाराच्या येवजणे खाला शेतकारांक लुकसाण भरपाय दितले अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी जाहीर केला. शेतकरी आधार निधी वरवी ₹40,000 दर हेक्टराक आनी 4 हेक्टराक ₹1.6 लाख मेरेन अर्थिक मजत दीतले. डिसेंबर 2025 मेरेन ही लुकसाण भरपाय दितले. शेतकार समाजाक वेळार आदार आनी सतत समृध्दी सुनिश्चीत करपाक आमी कटिबद्ध आसात अशे मुखेलमंत्र्यानी म्हळा.

भारतीय वेंचणूक आयोगान (ईसीआय) राष्ट्रीय मतदार helpline(१९५०) सक्रिय करून 'बुक-ए-कॉल विथ बीएलओ' सुविधा सुरू केल्या, जाका लागून नागरिकांक वेंचणुके संबंदीत प्रस्न आनी कागाळी सुटाव्यो करपाक मदत जातली. टोल फ्री हेल्पलायन (1800-11-1950) दर दिसा सकाळीं 8 ते सांजे 8 मेरेन काम करतली, फोन करप्यांक मदती खातीर प्रशिक्षीत कार्यकारी अधिकाऱ्यां कडेन ही सुविधा संपर्क करून दीतली. प्रादेशिक भाशांनी ही सुविधा उपलब्ध जावची म्हण राज्य आनी जिल्लो पांवड्यार संपर्क केंद्रांय स्थापन केल्यांत, सगळ्या कागाळींचो राष्ट्रीय तक्रार सेवा पोर्टला वरवीं (एनजीएसपी 2.0) मोनीटरींग जाता. ईसीआयनेट प्लॅटफॉर्माचेर नव्या 'बुक-ए-कॉल विथ बीएलओ' खाशेलपणांतल्यान मतदारांक थेट तांच्या बूथ लेव्हल अधिकाऱ्यां कडेन पावूंक मेळटा, जाल्यार अधिकाऱ्यांक 48 वरां भितर तक्रार निवारण करपाची सुचोवणी दिल्या. तशेंच नागरिकांनी ईसीआयनेट ॲपा वरवीं वा complaints@eci.gov.in हाचेर ईमेल करून ईसीआय कडेन संपर्क करूं येता.

2025-26 वित्तीय वर्सा नुस्तेमारी संचालनालयान वेगवेगळ्या ICAR संस्थांनी नुस्तें पालन करपी, नुस्तेकार, नुस्तें कामगार, नुस्तें विक्रेते हांचे खातीर 5 दिसां खातीर Exposure भेटीचे 6 पंगड घडयल्यात. प्रस्तावीत ICAR संस्थांनी ICAR CIFA, भुवनेश्वर, आयसीएआर-CIBA, चेन्नय, आयसीएआर-CIFE, मुंबय, आयसीएआर-CIFT, कोच्ची आनी आयसीएआर-CMFRI, कोची हांचो आस्पाव जाता. ह्या प्रदर्शन भेटीचो विषय कार्प संवर्धनांत रोग आनी भलायकी वेवस्थापन, नुस्त्याचें पोशण आनी खावड वेवस्थापन, खाऱ्या उदकाचें जलसंवर्धन, खाऱ्या उदकाचें जलसंवर्धन तंत्रज्ञान, उत्तम वेवस्थापन पद्दती, एकत्रीत जलसंवर्धन एकत्रीत बहु-उपचार जलसंवर्धन, नुस्तें प्रक्रिया हाचो आसापाव आसा

फर्मागुडी P.E.S रवी नाईक कला आनी विज्ञान महाविद्यालय, प्राणीशास्त्र विभागान उच्च माध्यमिक विभागान "लॅब टू नेचर : अ सायन्टिफिक जर्नी" ह्या नांवान पांच दिसांची शिंयाळी कार्यशाळा घडोवन हाडल्या. प्राणीशास्त्र खातें, गोवा राज्य संशोधन फावंडेशन (GSRF) हांच्या सहकार्यान ही कार्यशाळा जातली. ११ ते १५ नोव्हेंबर मेरेन हाचे खातीर नोंदणी करप आवश्यक आसा.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत चडांत चड तापमान 30.8 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान २3.8 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी हल्को ते मध्यम प्रमाणात पावस पडू येता. गोंयांत ऑक्टोबर म्हयन्यांत पावसाचे प्रमाण ९१ टक्के चड आसा. ह्या म्हयन्यांत आतां मेरेन उत्तर गोयांत ३०७ मिलीमीटर जाल्यार दक्षिण गोयांत २९३ मिलीमीटर पावस पडला. पावसाक लागून येरादारीच्या कोयंडी सयत लोकांची जीण विस्कळीत जाली.